**घटक राज्य कार्यावळ 160**

गोंय घटक राज्य दीसाच्या सुवाळ्याक उपराष्ट्रपती डॉ. सी. पी. राधाकृष्णन हे मुखेल सोयरे म्हूण हाजीर आसतलें. ह्या सुवाळ्यात मारियो मिरांडा हांचे कार्टुनाचे प्रदर्शन भरतलें. तशेच कार्यावळीत मारियो मिरांडा हांच्या खासा स्टॅम्प कव्हराचे अनावरण जातलें. मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी ही म्हायती दिली. शनवारा 30 मे रोजी सकाळी 10.30 वराचेर कला अकादमीत घटक राज्य दीसाची मुखेल कार्यावळ जातली. गोंया खातीर वावर केल्या मानेस्तांचो गोपाळ रत्न तशेच हेर पुरस्कारांनी भोवमान जातलो. राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजू, मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत तशेच हेर मानेस्त कार्यावळीक हाजीर आसतलें. ही कार्यावळ जाले उपरान दनपारा 12.30 वराचेर उपराष्ट्रपती एनआयओक भेट दितले. कुंकळ्ळी ते बाळ्ळी मेरेनच्या रस्त्याच्या चौपदरीकरणा खातीर 1880 कोटी रूपयांचो निधी मंजूर करपा खातीर मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी तशेच केंद्रीय रस्ते आनी म्हामार्ग मंत्री नितीन गडकरी हांचे उपकार मानल्या. डबल इंजीन सरकारान गोंयच्यो सगळ्यो मागण्यो पुराय केल्या. येरादारीक लागून कुंकळ्ळी ते बाळ्ळी मेरेनच्या रस्त्याचेर येरादारीची सेगीत कोयंडी जाता. ह्या रस्त्याचे काम बेगीन पुराय जातलें, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलां.

**चंद्रकांत शेटये100**

आयच्या या धावपळीच्या युगात दरेक मनशान आपल्या भलायकीची जतनाय घेवप गरजेचें आसा. दुयेंत पडल्या उप्रांतूच भलायके विषयी विचार न करता भलायकी सदांच निरोगी दवरपाखातीर दर एकल्यान जतनाय घेवंक जाय अशें मत दिवचलचे आमदार डॉक्टर चंद्रकांत शेटये हाणीं उक्तायलें . आयज दिवचल हांगसर बायो केअर पॅथॉलॉजी आणि बायोडाइट क्लिनिकच्या उक्तावण सोहळ्यात मुखेल सोयरे म्हुण आमदार डॉक्टर चंद्रकांत शेटये उलयताले. ह्या वेळार तांचे सांगतान खास सोयरे म्हुण मये मतदारसंघाचे आमदार प्रेमेंद्र शेट ,दिवचल नगरपालिकेचे मुखेल अधिकारी निहाल तळावणेकर ,सिद्धी कासार आणि हेर मानेस्त हजर आशिल्ले. आमदार प्रेमेंद्र शेट

हाणी बायोकेअर पॅथॉलॉजी तशेच बायोडाएट क्लिनिक च्या मालकांक शुभेच्छा दीत आसतानाच त्यांच्या या उपक्रमाची परबी भेटयली.

**ऑलिम्पियाड 180**

गोंय राज्य शिक्षण संशोधन आनी प्रशिक्षण मंडळान, सगळ्या सरकारी, सरकारी अनुदानित आनी विना-अनुदानित मिडल, हायस्कूल आनी हायर सेकेंडरी शाळांनी आंतरराष्ट्रीय हिंदी ऑलिम्पियाड २०२६ आनी "अमृत कुंभ सन्मान २०२६" या सर्तींत वांटेकार जावंचे अशे आवाहन केलां. हिंदी ऑलिम्पियाड फाऊंडेशन, नवी दिल्ली ह्या संस्थेन ही सर्त आयोजित केल्या.या आंतरराष्ट्रीय हिंदी ऑलिम्पियाड सर्तींत पहिली ते बारावीचे विद्यार्थी वांटो घेऊंक शकतात. हे सर्तीचेर विद्यार्थ्यांच्या बौद्धिक क्षमतेचें मूल्यांकन करप, शुद्ध लेखन आनी व्याकरण सुदारप हाचेर भर आसता. ही परीक्षा तीन पांवड्यांनी जातली. पयल्या पांवडयार ८० टक्क्यां परस चड गूण मेळोवपी विद्यार्थी फुडल्या पांवड्याखातीर पात्र थारतले. परीक्षा जुलय ते नोव्हेंबर २०२६ या काळांत जातली.हाचे वांगडाच, 'अमृत कुंभ सन्मान २०२६' या सर्ती अंतर्गत शाळांचे प्राचार्य आनी हिंदी शिक्षकांकडून तांची स्वतः बरयिल्ली, अप्रकाशित कविता, ल्हान काणी, निबंध, आत्मचरित्र वा नाटक मागयल्यात. शिक्षकांनी आपली साहित्य कृती ३१ ऑक्टोबर २०२६ मेरेन फाऊंडेशनच्या वेबसाईटचेर वा ईमेल (aks@hindiolympiad.edu.in) वरवीं धाडची. निवडक साहित्य कृती फाऊंडेशनच्या वेबसाईटचेर प्रसिद्ध करतले आनी शिक्षकांक सन्मानित करतले. गोंय राज्यातील चडांत चड शाळांनी, विद्यार्थ्यांनी आनी शिक्षकांनी या आंतरराष्ट्रीय उपक्रमांत भाग घेवचो, अशें आवाहन GSCERT च्यो संचालिका मेघना शेटगांवकर हांणी केलां. अधिक माहिती खातीर शाळांनी www.hindiolympiad.com या संकेत थळाचेर वचू येता.

**दिवचलपुरुमेंता**

पावसाचे दीस येवपाक अवघे काय दिस उरिल्ले आसतानाच दिवचल म्हालांत पुरुमेंताच्या बाजारात लोकांची गर्दी दिसता.दिवचल हांगसर दर बुधवारा सप्तुकी बाजार भरता जाल्यार साखळे हांगासर दर सोमारा सप्तुकी बाजार भरतात .साखळी तशेच दिवचल या दोन्ही बाजारांनी सध्या लोकांची गर्दी दिसता. पुरमें ताच्या वस्तूंचो साठो करपाखातीर गावठी मिरसांग, गावठी कांदो, खारें तशेच हेर वस्तू खरेदी

करपाखातीर  लोक व्हडा प्रमाणात दिवचल तशेच साखळेच्या बाजारात येतना दीष्टी पट्टा. गावठी मिरसांग 900 ते हजार रुपये किलो तशेच बेगडी आणि काश्मिरी मिरची सातशे ते आठशे रुपये प्रति किलो अशा दरान सध्या विक्री चालू आसा.

**"Stolen 45**

गोव्याचे डॉ. स्वप्नील साळकर हाका , मुंबईच्या 'ताज लँड्स एन्ड' हांगा आयोजित 'स्क्रीनरायटर्स असोसिएशन अवॉर्ड्स २०२६' सर्तींत  "Stolen" या ओटीटी (OTT) चित्रपटाखातीर  'सर्वोत्कृष्ट पटकथा' आणि 'सर्वोत्कृष्ट कथा' हे पुरस्कार फावो जाल्यात . फिल्मफेअर' आणि 'स्क्रीन अवॉर्ड्स' यशाउपरांत , डॉ. साळकर हाका मेळील्लो हो तिसरो भोवमान  आसा.

**पर्यावरण वावुरपी फादर बोलमेक्स १५५**

मडगाव: गोंयचे फामाद पर्यावरणवादी कार्यकर्ते आनी चिखली हांगाच्या सेंट फ्रांसिस झेवियर इगर्जेत पाद्रीपण करपी फादर बॉलमेक्स परेरा हांकां आयज फांतोडेर खर काळजाचो आताक आयिल्ल्यान दुखेस्त मरण आयले. बांबोळी हांगाच्या गोंय वैजकी म्हाविद्यालय हॉस्पिटलांत उपचार चालू आसतना आयज सकाळीं साडे चार वरांचेर तांणी निमणो स्वास घेतलो. तांची पिराय ५० वर्सां आसली.गोमेकोचे वैजकी अधीक्षक डॉ राजेश पाटील हांणी दिल्ले म्हायती प्रमाण फादर शेनवारा पेरेराक उपचारा खातीर गोमेको हांगा दाखल केल्लो. आयतारा ताची स्थिती इबाडिल्ल्यान ताका आयसीयु देखरेख युनिटांत हालयल्ले. थंय ताका व्हेंटिलेटराचेर दवरिल्ले. आयज सकाळीं अचकीत भलायकी इबाडिल्ल्यान ते संवसाराक अंतरले अशें तांणी सांगलें. मजगतीं, फा.बा ॅलमेक्स हांच्या कुडीचेर बिरेस्तार 28 मे दिसा निमणे संस्कार जातलें अशें चिखलींतल्या सेंट फ्रांसिस झेवियर इगर्जेकडल्यान जाहीर केलां. त्या दिसा सकाळीं 7 वरांचेर ताची कूड लोकांक निमणे दर्शन घेवपा खातीर इगर्जेंत हाडटले. ते उपरांत सकाळीं 10 वरांचेर पवित्र मिस जातले. ते उपरांत ताची कूड केपे हांगाच्या ताच्या घराकडेन व्हरतले. केपेच्या होली क्रॉस इगर्जेंत निमणी प्रार्थना जाल्या उपरांत दनपारां 3 वरांचेर तांचे कुडीचेर दफनविधी जातला े.

**Digital India campaign क १२ वर्सा पूराय जात आस्ताना गोयच्ये उद्द्योजक रघु शेटये हानी आकाशवाणी कडेन उलयताना आपले मत उक्तायला.**

**हवामान**

हवामानांतल्या वेगवेगळ्या बदलांक लागून 2६ मे सावन 27 मे मजगतीं राज्यांत जोगलां आनी गडगड मारून पावस पडपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या. संबंदीत फाटभुंयेर हवामान खात्यान आयज पावसा खातीर येलो एलर्ट ज्यारी केला.काल गोंयांत किरकोळ पावसाची नोंद जाल्या.

**कळवणी**

आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या प्रादेशीक खबरां विभागावरवीं वृत्तनिवेदकाच्या पदाखातीर तात्पुरत्या कराराचेर पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयल्लात. उमेदवार पदवीधर आसप गरजेंचे आसा.पिराय 21 ते 50वर्सां मजगती आसची. ताका कोंकणी भाशेचें गिन्यान आसपाक जाय.अर्ज करपाक निमणी तारीक 1 जून 2026 आसा.